१०.०२.०२०२५ सकाळी ७.२५ वरां

आकाशवाणी पणजी केंद्र, प्रादेशिक खबरा विभाग

प्रादेशिक खबरो

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज सकाळी ११ वरांचेर देशभरांतल्या विद्यार्थी , पालक आनी शिक्षकांकडेन 'परीक्षा पे चर्चा 'कार्यावळीतल्यान संवाद सादतले. ओंदू ह्या कार्यावळीची आठवी आवृत्ती. परिक्षेची तयारी, ताण वेवस्थापन, आनी विद्यार्थ्यांची वैयक्तीक जडण घडण हांचे विशीं प्रधानमंत्री आपले विचार मांडटले. ह्या कार्यावळींत देशभरांतले वेंचीक विद्यार्थी प्रधानमंत्र्यांक प्रस्न विचारतले. दूरदर्शना वरवीं डीडी नॅशनल, डीडी न्यूज आनी डीडी इंडिया वरवीं हो कार्यक्रम लायव्ह प्रसारीत जातलो. तशेंच रेडिओ चॅनलांचेर लायव्ह प्रसारणा वरवीं आकाशवाणी एफएम चॅनल , पीएमओ, एमओई, मायगॉव्ह डॉट इन युट्युब चॅनलांचेर लायव्ह वेब स्ट्रीमिंग, फेसबूक लायव्ह, दिक्षा, पीएम ई विद्या आनी एमओईच्या स्वयंप्रभा चॅनलांचेर ही कार्यावळ उपलब्ध जातली. ह्या वर्सा परीक्षा पे चर्चा 2025 ही फकत एक कार्यावळ न्हय-ती एक चळवळ आसा. पीएम मोदी आनी तज्ञ हांचो आस्पाव आशिल्ल्या 8 एपिसोडांनी परिक्षा, शिस्त, आनी वैयक्तीक वाड हांचे विशीं विद्यार्थ्यांक, पालकांक आनी शिक्षकांक टिपण्यो आसतल्यो. राज्यभरांतल्या चडांत चड विद्यार्थ्यांक, पालकांक आनी शिक्षकांक मानादीक प्रधानमंत्री हांची ही कार्यावळ पळोवपाक शक्य जावंचे म्हूण शाळा व्यवस्थापनानी खासा व्यवस्था करची अशी सुचोवणी शिक्षण संचालक शैलेश झिंगडे हांणी दिल्या. विद्यार्थ्यां वांगडा लायव्ह प्रसारण पळोवपा खातीर, संसदेचे वांगडी, विधानसभेचे वांगडी, पंच वांगडी, नामनेचे व्यक्ती, निवृत्त अधिकारी आनी पालक अशा भौशीक प्रतिनिधींक शाळेंत आपोवचे अशेंय ह्या परिपत्रकांत म्हळां.

शालान्त मंडळातर्फे जावपी बारावीची परीक्षा आयज सावन सुरू जाता. अंदू 17718 विद्यार्थी बारावेची परिक्षा दितले. फाटल्या वर्साचे तुळेन अंदू 207 विद्यार्थी चड आसा. बारावेची परिक्षा 10 फेब्रुवारी ते 1 मार्च मेरेन चलतली. इकरावेक नापास जाल्ले 157 विद्यार्थी अंदू थेट बारावीचे परिक्षेक बसतले. दर वर्सा 10 ते 12 विद्यार्थी थेट बारावेची परिक्षा दिता. अंदू हो आंकडो वाडला. शालान्त मंडळाचे अध्यक्ष भगीरथ शेट्ये हांणी ही म्हायती दिली. इकरावेक नापास जावन लेगीत खासगी विद्यार्थ्यांच्या गटांत परिक्षेक बसपी विद्यार्थ्यांचो आकडो अंदू वाडला. तशेंच आयटीआय जाल्ले 50 विद्यार्थी अंदू बारावेची परिक्षा दितले. हो आंकडो नेमीत (रेगुलर) परिक्षा दिवपी विद्यार्थ्यांच्या आंकड्यांत जमेक धरलो वच्चो ना. कला शाखेत 4076 विद्यार्थी, वाणीज्य शाखेत 5092 विद्यार्थी, विज्ञान शाखेत 6095 जाल्या वेवसायीक शाखेत 2455 विद्यार्थी परीक्षेक बसतले.अंदू बारावेची परिक्षा 10 फेब्रुवारी 2025 सावन सुरू जाता. फाटल्या वर्सा (2024) 17511 विद्यार्थी परिक्षेक बशिल्ले. अंदूं 207 विद्यार्थी चड आसात. दर वर्सा विद्यार्थ्यांचो आंकडो बदलत आसता. विद्यार्थ्यांच्या आंकड्यांत चड फरक पडूंक ना, अशें मंडळाचे अध्यक्ष भगीरथ शेट्ये

हांणी सांगलें.सगले विशय घेवन (रिपीटर) परिक्षेक बसपी विद्यार्थ्यांचो आंकडो 36 आसा. हातूंत 20 विद्यार्थी आनी 16 विद्यार्थिनी आसात. तशेंच कांय विशय घेवन (रिपीटर) परतून परिक्षेक बसपी विद्यार्थ्यांचो आंकडो 828 आसा. पयलींच्या निकालांत सुदारणा (इम्प्रुमेंट) करपा खातीर 17 विद्यार्थी परिक्षेक बसतले.

अर्थीक वर्स सोपपाक दोन म्हयने उरले आसताना दयानंद सामाजीक सुरक्षा येवजणेचे (डीएसएसवाय) येवजणेचे अर्थसंकल्पातले 173 कोटी 13 लाख रूपया खर्च जावपाचे बाकी आसा. 2024 - 25 वर्सा अर्थसंकल्पात 436 कोटी 80 लाखांची तजवीज आशिल्ली. हाचे पयकी 236 कोटी 67 लाख रूपया खर्च जाल्या. विधानसभेतल्या लेखी प्रस्नाक समाज कल्याण खात्याचे मंत्री सुभाष फळदेसाय हांणी ही लेखी जाप दिल्या. दयानंद सामाजिक सुरक्षा येवजणे खातीर अंदूच्या अर्थसंकल्पात चड पयशांची तजवीज आशिल्ली.

सध्या स्टोक एक्सचेंजींच्य गुंतवणुक करपाच्या नावान ओनलायन पध्दतीन पैशे लुटुन लोकांक तोपी घालपाचे प्रकरणा वाडल्यात. पैशे दोबरात करपाच्य नादान , वा चड कळंतर मेळवपाच्या नादान लोकांनी अशा फेसबुक, इन्साग्राम , वोटस एप, तशेंच हेर समाज माध्यमातल्यान येवपी बोगस कंपनीच्या वेवहाराक पडुन फसचे न्ही अशे आवाहन गोंय पुलिशेचे क्रायम ब्रांचीचे पुलिस अधिक्षक राहुल गुप्ता हांणी केला. रायबंदर क्रायम ब्रांचीत घेतिल्या पत्रकार परीशदेत ते उलयताले. तशेंच पैसाचो हावेस दाखोवपी लिन्क वा मेसेजिंक भुलचे न्ही अशेय आवाहन तांणी केला.